# राज्यपालाकडल्यान ईद ई मिलाद निमतान परबीं

ता. 25 ऑगस्ट 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम भाव-भयणांक ईद ई मिलाद निमतान मनाकाळजा सावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ईद ई मिलाद वा मिलाद ऊन नबी हो दीस महम्मद पैगम्बराचो जल्म दीस आसा. प्रेम, भावपण, समानताय आनी मानव सेवेचो तांचो सदाकाळ संदेश आयच्या काळात लेगीत खूब म्हत्वाचो आसा.

ह्या पवित्र प्रसंगार आमी परस्पर आदर, समजीकाय आनी दयाळूपणाच्या बुन्यादीचेर समाज निर्माण करपाच्या आमच्या बांदिलकी कडेन पुर्नसमर्पित जावया आनी समाजातल्या सगळ्यां घटकांचे कल्याण आनी प्रगती खातीर एकवटान काम करूया.

ईश्वराची कृपा प्रत्येक कुटुंबात शांतीकाय, खुशालकाय आनी बरी भलायकी घेवन येव. ह्या खुशालकायेच्या प्रसंगार गोंय आनी आमच्या देशभरात भावपण आनी सलोख्याचे नाते आनीक मजबूत जाव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/588

--
-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.